राजश्री कामत  प्रादेशिक खबरो   30.12.2025 @ 7.25AM

गणेश

राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नवीन हांची वाटचाल आनी अणभव हो पक्ष आनी देश घटमुट करपाक पूरक थारतलो, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. नवी दिल्लीत राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नवीन हांची भेट घेतल्या उपरांत तांणी सांगले. भारतीय जनता पक्षाचे राष्ट्रीय कार्यकारी अध्यक्ष नितीन नवीन हे बेगीनूच संघटणात्मक कार्याचो नियाळ घेवपा खातीर गोंयांक भेट दिवपाचे आसा. नवे अध्यक्ष सगळ्या राज्यांची भोवंडी करपाचे आसा. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हांणी नवी दिल्लीत भाजपाचे राष्ट्रीय कार्यकारी अध्यक्ष नितीन नवीन हांची भेट घेवन तांका परबी भेटयली. नितीन नवीन हे कार्यकारी अध्यक्ष जाले उपरांत मुखेलमंत्र्यांनी पयलेच खेप तांची भेट घेतल्या. हे वेळार आदले आमदार सिद्धार्थ कुंकळ्येकार, आदले खासदार ॲड. नरेंद्र सावयकार आनी सर्वानंद भगत उपस्थित आशिल्ले.

गणेश

नव्या वर्साच्या पयलेच अधिवेशनात लेगीत राज्याचे प्रस्न मांडपा खातीर फाटले खेपे प्रमाण युनायटेड अपोजीशन आसतलें. विरोधी पक्षांच्या आमदारांची बसका 3 जानेवारीक जातली. विधानसभेचे अधिवेशन 12 जानेवारी ते 16 जानेवारी मजगती जातलें हे खेपे  लेगीत सरकाराक धारेर धरपा खातीर विधानसभेत सगळ्या विरोधी आमदारांक एकठांय हाडपाचे यत्न आसा, अशें काँग्रेस विधीमंडळ फुडारी युरी आलेमाव हांणी सांगलें.

सुशांत

दक्षिण गोय जिल्हा पंचायत मंडळाचे अध्यक्ष आणि उपाध्यक्ष वेचून काडपाखातीर आज वेचणूक जातली . अध्यक्षपदा खातीर भाजपचे सिद्धार्थ गावस देसाय आणि काँग्रेसीची लुईझा रॉड्रिग्ज हांणी अर्ज भरल्या जाल्यार उपाध्यक्ष पदाखातीर भाजपची अंजली वेळीप आणि गोवा फॉरवर्डची इनासीना पिंटो हाणी अर्ज भरल्यात.

सुभाष

पर्वरी उड्डाण पुलाच्या कामा खातीर 2 जानेवारी ते 2 मार्च 2026 ओडीपी रस्तो ते दामियान दी गोवा तशेंच कदंब हॉटेल ते ओ कोकेरो जंक्शना मेरेनचो रस्तो येरादारी खातीर बंद आसतलो. ह्या वेळार पर्यायी मार्गान येरादारी वळयतले. उत्तर गोंय जिल्होधिकारी अंकीत यादव हांणी आदेश जारी केला.

जी राम जी

विकसित भारत - रोजगार आणि अजीविका मिशन (ग्रामीण) कायद्या खातीर फाटल्या सात वर्षांच्या सरासरी वाटपाच्या तुलनेत बहुतेक राज्यांक १७ हजार कोटी रुपयांचो निव्वळ फायदो जावपाची शक्यता आसा. या कायद्यान वीस वर्सा पोरण्या महात्मा गांधी राष्ट्रीय ग्रामीण रोजगार हमी कायदो २००५ ची सुवात घेतल्या. विकसित भारत - जी राम जी कायद्याचो उद्देश सगळ्या स्तरां चेर रोजगार निर्मिती, पारदर्शकता, नियोजन आणि जबाबदारी मजबूत करप आसा

MKB

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी राज्यांक उत्पादनांक प्रोत्साहन दिवपाचे, व्यवसाय सुलभतेक चालना दिवपाचे आणि भारताक जागतिक सेवा क्षेत्रातलो दिग्गज करपाचे आवाहन

केला.प्रधानमंत्री मोदी हांणी स्वदेशी उत्पादना लोक आता खरेदी करतात आणि तांचे मदी हे विशी उमेद आसा अशे सांगले

राजश

रवींद्र भवन साखळी हांगा  मास्टर दिनानाथ मंगेशकर जयंती निमित्तान फाल्या सांजवेळ 7:30 वरांचेर शास्त्रीय गायनाची कार्यावळ आयोजित केल्या .हे कार्यवळीत आग्रा जयपूर घराण्याचे नामनेचे गायक डॉक्टर शशांक मक्तेदार आपले गायन सादर करतले. गोपाल प्रभू आणि अमर मोपकर हे तांका संगीतसाथ करतले.रसिकांनी हे कार्यवळीक हजर रावपाचे आवाहन साखळी रवींद्र भवनाच्या जाळवणदारांनी केला .

नायडू

केंद्रीय नागरी उड्डाण मंत्री किंजरापु राम मोहन नायडू बेंगळुरूत ध्रुव एनजी हेलिकॉप्टरच्या उक्तावण उड्डाणाक पाचवा बावटो दाखयतले. एडव्हान्स्ड लाइट हेलिकॉप्टर नेक्स्ट जनरेशन ध्रुव हे २०२५ च्या एअरो इंडिया शोत एचएएलन प्रदर्शित केल्या स्वदेशी हेलिकॉप्टरचे नागरी रूप. हे स ते १४ प्रवासी हेलिकॉप्टर पर्यटन, व्हीआयपी येरादारी, आपत्ती आणि हुंवार व्यवस्थापन आणि ऑफशोअर मोहिमा यासारख्या नागरी भूमिका निभावपाक सक्षम आसा. हातुत स्वदेशी शक्ती इंजिन आणि नागरी प्रमाणपत्रा खातीर सुधारित वैशिष्ट्य आसात.

स्पोर्ट्स

गोवा क्रिकेट असोसीएशनाच्या बार्देझ विभागिय ब गट क्रिकेट सर्तीत ग्लोबल स्पोर्ट्स क्लुबान पोलीटिक्स इलेव्हानाक चार गडे राखून हारायले.

दोहा हांगा जाल्ल्या फिडे वर्ल्ड रॅपिड चेस चॅम्पियनशिप 2025 च्या उक्त्या विभागांत कांस्य पदक जिकील्ल्या अर्जुन अरीगासी आनी बाय्लांच्या विभागात कास्य पदक जीकील्या कोनेरू हम्पी हान्चो  म्हाका गर्व आसा. तांचो निर्धार तोखणायेचो. तांच्या फुडाराच्या वावराक हांव ताका यश  मागतां."अशा शब्दात  प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी परबीं दिल्या

वेदर

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३३  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान १९.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद  जाला. राज्यात वातावरन सुके आणि वताळ आसतले आणि काय प्रमाणात धुके पात्ळू येता अशे वेध शाळेन म्हणला